**अपघात टाळपाखातीर रस्त्याचो वापर करतल्यांनी खबरदारी घेवपाची गरज- मुख्यमंत्री**

ता. 14 ऑक्टोबर 2024

गोंयच्या रस्त्यांचेर अपघात टाळपाखातीर रस्त्याचो वापर करपी प्रत्येकान खबरदारी घेवपाची गरज आसा. गोंयच्या रस्त्यांवयल्या अपघातांचो आनी अपघातांनी मरण येवप्यांचो आंकडो वाडत आसा, ही हुस्क्याची गजाल आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजे येरादारी संचालनालयान आयोजीत कार्यक्रमात 13 व्या राज्य रस्तो सुरक्षा सप्तक-2024 चे उक्तावण केले उपरांत उलयतना सांगलें.

सोरो पिवन रस्त्याचेर वाहन चलोवप, वाहन चलयतना फोनाचेर उलवप, स्टंट करप, वाहन नेटान चलोवप अशां कारणांक लागून रस्त्यांचेर अपघात जातात. भौशीक येरादारीच्या सुरक्षेखातीर संबंदीत अधिकाऱ्यांनी प्रवासी येरादारी वाहन चालकांची तपासणी करून चालक सोरो पियेल्लो ना हाची खात्री करपाक जाय, अशें तांणी सांगलें.

मुख्यमंत्र्यान फुडें सांगलें, रस्तो अपघातांत जीव गेल्ल्या पिडेस्तांच्या कुटुंबाक बेगीनात बेगीन लुकसाण भरपाय दिवपा खातीर सरकारचे प्रयत्न आसता, पुण रस्त्यांवयल्या अपघातांनी सापडपी मनशाचो जीव वाटोवप महत्वाचे आसा. डॉ. सावंत हांणी ह्या वेळार विंगड विंगड शाळांच्या विद्यार्थ्यांनी रस्तो सुरक्षा विशयाचेर मांडलेल्या प्रदर्शनाची पळोवणी करून विद्यार्थ्यांची तोखणाय केली.

येरादारी मंत्री श्री. मॉवीन गुदिन्हो हांणी गोंयच्या रस्त्यांचेर अपघातांचो आंकडो कित्याक वाडटा, हाचेर विचार करपाची गरज आशिल्ल्याचें सांगलें. तरणाट्यांनी रस्त्याचेर वाहन चलयतना रस्त्यावयल्या नेम पाळपाची गरज आसा, अशें सांगून येरादारी मंत्र्यान रस्त्याचेर नेम मोडप्यांचेर कारवाय करपा खातीर सरकार सगल्या मुखेल रस्त्यांचेर सीसीटीव्ही कॅमेरे बसयतले, अशें सांगलें.

येरादारी संचालक श्री. पी. प्रविमल अभिषेक हांणी रस्तो सुरक्षा सप्तकाच्या काळात रस्त्यावयली सुरक्षा आनी नेमांविशीं जागृताय करपा खातीर रस्तो सुरक्षा नायक जायात ह्या संकल्पनेखाला अनेक कार्यक्रमांचे आयोजन करपात येतले, अशें सांगून रस्त्यावयल्या सुरक्षे खातीर येरादारी संचालनालय आनी बिगर सरकारी संस्थां वरवीं जावपी कामाची तोखणाय केली.

ह्या वेळार रस्तो सुरक्षा विशयाचेर फिल्म तयार करपाच्या सर्तीच्या जैतिवंतांक इनामां भेटयली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/571

--

---


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.